Akashwani panaji national news 8.40 am 14th feb 2026

Prez 100

विकसित राष्ट्राच्या उभारणी खातीर फक्त राजकीय स्थिरता आणि मजबूत अर्थव्यवस्थाच न्हय तर निरोगी, सुशिक्षित आणि जबाबदार नागरिकांची लेगीत गरज आसा अशे राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी सांगले. नवी दिल्लीत सशक्त भारता खातीर कर्मयोग या देशव्यापी मोहिमेत उलयताना राष्ट्रपतीनी म्हणले की, लोकांच्या सक्रिय सहभागा शिवाय खंयचेच राष्ट्रीय ध्येय साध्य करप कठीण आसा. **Byte**

संतुलित आणि समग्र विकासा खातीर प्रगती, नैतिकता आणि अध्यात्मा कडे जोडपाक जाय अशे राष्ट्रपती मुर्मू हाणी म्हळे. आर्थिक विकास समृद्धी हाडटा आणि तांत्रिक प्रगती नवोपक्रम, कार्यक्षमता आणि स्पर्धात्मकतेक प्रोत्साहन दिता आणि एकठांयपणान ते समृद्ध राष्ट्राची बुन्याद रचतात अशे सांगुन राष्ट्रपतींनी नागरिकांक परिणाम “कडेक” दवरून प्रामाणिकपणा आणि समर्पणान कामार लक्ष केंद्रित करपाचे आवाहन केले. **Byte**

Pm70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सेक्टर 43 आयएसबीटी चंडीगढ हांगा पीएम ई-बस सेवा येवजणे खाला नव्या इलेक्ट्रीक बशींक पांचवो बावतो दाखयतले . पीएम-ईबस सेवा येवजण ही भौशीक-खाजगी भागीदारी मॉडेला वरवीं 169 शारांनी 10,000 इलेक्ट्रीक बशी वापरपा खातीर ऑगस्ट 2023 वर्सा सुरू केल्लो केंद्र सरकाराचो उपक्रम . वट्ट 57,613 कोटी रुपया खर्च करून, संघटीत

बस सेवा नाशिल्ल्या शारांनी लक्ष केंद्रीत करून पाचवी शारी हालचाल वाडोवपाची मोख दवरून तातूंत मुळाव्या साधनसुविधांचा विकासाचो आस्पाव जाता.

Pm guwahati73

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आसामांच्या भोंवडेर आसात. आयज सकाळीं सुमार 10:30 वरांचेर ते डिब्रुगढ जिल्ह्यांतल्या राष्ट्रीय म्हामार्गाचेर विकसीत केल्ल्या मोरन बायपासाचेर आपत्कालीन उड्डाण सुविधेंत पावतले. थंय ते झुजारी, येरादारी विमानां आनी हेलिकॉप्टरांचें हवाई प्रदर्शनूय पळयतले . आणीबाणीच्या वेळार लश्करी आनी नागरी विमानांक उड्डाण करपाक आदार दिवपाखातीर भारतीय वायुसेनेच्या समन्वयान तयार केल्ली सुविधा ही ईशान्य भारतांतली पयली थारल्या .त्याच प्रमाण प्रधानमंत्री मोदी दनपारां गुवाहाटींत 5,450 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या प्रकल्पांचें उक्तावण करतले

Pmnews 73

साबार व्यत्ययांतल्यान हें दशक भारता खातीर अपूर्व उदरगतीचो जाला, तातूंत वितरण आनी लोकशाय घटमूट करपी यत्न जाले अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. काल सांजवेळा नवी दिल्लींत जाल्ल्या ईटी नाऊ ग्लोबल बिझनेस शिखर सभेंत उलोवप करतना तांणी , जागतीक महामारी, संवसारभर तणाव, झुजां, पुरवण साखळी मोडप,एका दशकांत अशो घडणुको पळोवपाक मेळ्यात .प्रधानमंत्र्यांनी जायते आडमेळीं आसून लेगीत हें दशक भारताची लोकशाय उदरगत, उत्कृश्ट वितरण घटमूट करपाचो आसा हाचो तांकां खूब अभिमान आशिल्ल्याचे ताणी सांगले.

Goyal87

कॉँग्रेस फुडारी राहुल गांधीन केल्ल्या आरोपांक वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयला हाणी न्हयकारला आनी माचयेर वेवस्थापन केल्लें, कृत्रीम आनी बनावट कथन म्हणलां. भारत-अमेरिका वेपार वेवस्थे संबंदी राहुल गांधीन शेअर केल्ल्या व्हिडियो आरोपाक मंत्री गोयल हाणी जाप दिली . सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत तांणी कॉँग्रेसीच्या फुडाऱ्यान शेतकार प्रतिनिधी म्हूण आपूण दाखोवपी पक्ष कार्यकर्त्यां वांगडाच हे आरोप केल्यात. तांणी हे दावे पुरायपणान निराधार अशें म्हणत न्हयकार दिलो आनी देशांतल्या अन्नदातांक चुकीची वाट दाखोवपाचो यत्न केला असो आरोप केलो. शेतकारांच्या हिताची पुराय राखण सरकारान केल्या अशें तांणी स्पश्ट केलें

Shivratri 183

पशुपतिनाथ देवळांत महाशिवरात्रि उत्सवाची तयारी पुराय जाल्या आनी ह्या निमतान 8 लाखां परस चड भक्त भेट दिवपाची शक्यताय आसा. अंदूं 15 फेब्रुवारीक महाशिवरात्रि उत्सव मनयतले. नेपाळ आनी भारतांतले चडशे वेगवेगळ्या पंथाचे साधू आनी संत आशिल्ले व्हड प्रमाणांत यात्रेकरुंक पशुपतिनाथ देवळांत ह्या उत्सवा वेळार महादेवाचे दर्शन घेवपाखातीर गर्दी करतात.17 फेब्रुवारी मेरेन पांच दीस चलपी ह्या उत्सवा खातीर सेवा, पुजा, साधू आनी संतांची रावपाची वेवस्था हांची गरजेच्या वेवस्थेचे तयारी केल्या अशें गुठी संस्थांनी पुष्टी केलां. हजार नागा साधू सयत 4 हजारां परस चड साधू आनी संत काठमांडूक भेट दितात. पशुपतिनाथ वाठारांतल्या वेगवेगळ्या देवळांनी आनी सुवातींनी रावपी संतांक जळपाचीं लांकूड, जेवण, पुजा साहित्य, आनी देणगी दितले.

Sir 97

भारताच्या वेंचणूक आयोगान अस्तंत बंगालाच्या सगळ्या जिल्लो वेंचणूक अधिकाऱ्यांक सुचोवणी दिवन  आयोग आनी सर्वोच्च न्यायालयान आज्ञा केल्लीं कागदपत्रां चालू आशिल्ल्या एसआयआर प्रक्रियेच्या संदर्भांत अपलोड करपाची खात्री करची अशे सांगला . 16 फेब्रुवारीच्या सांजवेळा 5 वरां मेरेन सगळ्या जिल्लो वेंचणूक अधिकारी (डीईओ) सुनावणी पांवड्यार  लोकांनी सादर केल्ल्या सगळ्या कागदपत्रांची व्यक्तिगत तपासणी करतले अशें आयोगान स्पश्ट केलां.

Giriraj 70

संसदेच्या दोनुय सभा घरांचे कामकाज फुडल्या महिन्याच्या ९ तारखेक परत सुरू जावपाक तहकूब केले. अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो पयलो पावंडो फाटल्या महिन्याच्या अठावीस  तारखेक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मूच्या दोनुय सभा घरांच्या संयुक्त बसकेच्या अभिभाषणान सुरू जाल्ले.  मजगती वस्त्रोद्योग मंत्री गिरिराज सिंह यांनी भारत-अमेरिका कबलातीबद्दल लोकांमदी गोंधळ पसरयल्या बद्दल विरोधी पक्षांचेर टीका केली. **Byte**

AI 129

ह्या म्हयन्याच्या 16 ते 20 तारखे मेरेन भारतान आयोजीत केल्ल्या भारत-एआय इम्पॅक्ट समिटांत वीस राश्ट्रांतले संवसारीक फुडारी हाजीर रावपाचे आसात. तातूंत फ्रांसाचे राष्ट्राध्यक्ष emanuel macron, ब्राझीलचे राष्ट्राध्यक्ष louis inaciolula da silva , स्पेनचे राष्ट्राध्यक्ष pedro sanchez perez -castezon, स्वित्झर्लंडचो राष्ट्राध्यक्ष, guy parmelin, नेदर्लंड्साचो प्रधानमंत्री dick shoof, युएईचो अबू धाबीचो युवराज, शेख खालेद बिन मोहम्मद बिन जायद अल नहयान, मॉरिशसचो प्रधानमंत्री डॉ नवींचंद्र रामगोलाम, श्रीलंकेचो राष्ट्राध्यक्ष अनुरा कुमार डिसनायका, सेशेल्सचो उपाध्यक्ष सेबास्टियन पिल्लय आनी भूतानाचो प्रधानमंत्री त्शेरिंग टोबगे हांचो आस्पाव जाता . बोलिव्हिया, क्रोएशिया, एस्टोनिया, फिनलँड, ग्रीस, गियाना, कझाकस्तान, सर्बिया ह्या देशांतलेय फुडारी ह्या शिखर सभेंत वांटो घेवपाचे आसात अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां.

104 shinde

प्रवाशांक घरांतल्यान थेट कामाच्या सुवातेर पावपा खातीर कार्यक्षम भौशीक येरादारी वेवस्था दिवपा खातीर पॉड टॅक्सी सुरू करपाची येवजण तयार करपाचो निर्देश महाराष्ट्राचे उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे हांणी मुंबय महानगरीय प्रदेशांतल्या नगरपालिकांक दिल्यात. काल मुंबय जाल्ले बसकेंत शिंदे हांणी मेट्रो आनी थळाव्या प्रवासाक पूरक आशिल्ल्या महानगरांतल्या शारांनी 'पॉड टॅक्सी' सेवा सुरू केल्ल्याचो सविस्तर नियाळ घेतलो.

42 imd

भारतीय हवामान खात्यान आयज हिमाचल प्रदेशात दाट धुक्याच्या परिस्थितीचो अदमास उक्तायला . हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण आयज कर्नाटक, कोंकण आनी गोयांत उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा अशे कळयला

Sports 55

आयज सांजवेळा 7 वरांचेर अहमदाबादांत न्यूझीलंड आनी दक्षिण आफ्रिके आड खेळटले.